**प्रसिद्धी पत्रक**

शिक्षण मंत्रालय 30 सप्टेंबर 2023 आनी 1 ऑक्टोबर 2023 दिसा भारतीय भाशा उत्सव चालीक लायतलें आनी “तंत्रज्ञान आनी भारतीय भासो” ह्या विशयाचेर दोन दिसांची शिखर परिशद आयोजीत करतलें.

शिक्षण मंत्रालय 28 सप्टेंबर 2023 दिसा सावन सुरू जावपी 75-दिसांचो भारतीय भाशा उत्सवाचो एक भाग म्हूण 30 सप्टेंबर 2023 आनी 1 ऑक्टोबर 2023 ह्या दिसा, भारतीय भाशा उत्सव चालीक लायतलें आनी “तंत्रज्ञान आनी भारतीय भासो” ह्या विशयाचेर दोन दिसांची शिखर परिशद आयोजीत करतलें. बाबा साहेब डॉ. बी.आर.आंबेडकर आंतरराष्ट्रीय केंद्र, डॉ. राजेन्द्र प्रसाद रोड, नवी दिल्ली हांगासर भारतीय भाशा उत्सवाचो एक भाग म्हूण मानादीक शिक्षण मंत्री श्री धर्मेन्द्र प्रधान हांचे हस्तुकीं शिखर परिशदाचें उक्तावण जातलें. श्री. श्रीधर वेम्बू, चॅरमॅन, बोर्ड ऑफ गवर्नर्स ऑफ आयआयआयटी-डीएम कांचिपुरम आनी झोहो कॉर्पोरेशनाचे सीईओ हे बीज भाशण करतले.

हे शिखर परिशदेंत तीन विशयांचेर सत्रां जातलीं, (i) भारतीय भाशां खातीर तंत्रज्ञान, (ii) भारतीय भाशांनी तंत्रज्ञान, आनी (iii) भारतीय भाशां वरवीं तंत्रज्ञान. राष्ट्री शिक्षण धोरण -2020 त कल्पना केल्ले प्रमाणें, शिक्षण, सेवापूर्व आनी सेवारत शिक्षक, पाठ्यपुस्तक लेखक, परिक्षक आनी तज्ञांक प्रशिक्षण दिवप, क्रॅडीट्स दिवन भारतीय भाशांतलें ज्ञान आनी प्रविणताय तपासप, शिक्षण-अध्यापन साहित्याचें भाशांतर करप आनी निमाणे कडेन शिक्षणाच्या सध्याच्या परिसंस्थे कडल्यान भारतीय भाशा परिसंस्थे कडेन सुरळीत संक्रमण सुनिश्चित करप हाचे सयत शिक्षण क्षेत्रांत भारतीय भाशे खातीर तंत्रज्ञानाचो वापर करप हें ह्या विशयांचे पैलू आसात.

दोन दीस चलपी हे शिखर परिशदेंत, शिक्षण क्षेत्रांतल्या सगळ्या घटकां कडल्यान अंमलबजावणी खातीर भारतीय भाशांनी शिक्षणाचें ध्येय साध्य करपा खातीर आराखडो तयार करतले. हे शिखर परिशदेंत विद्यावीद, विद्यार्थी, रिसर्च स्कॉलर्स, एज्युटॅक आनी इन्फोटॅक अद्येग, तांत्रीक तज्ञ, मिजिया आनी फ्रिलान्सर अश्या वेगवेगळ्या वेवसाय आनी क्षेत्रांतले सुमार 1000 लोक हाजीर आसतले अशी अपेक्षा आसा. ही शिखर परिशद शिक्षण मंत्रालय (एम.ओ.ई.), कौशल्य विकास आनी उद्येगताय (एम.एस.डी.ई.) आनी तांचे खाला आशिल्ल्यो हेर संस्था, जशी भारतीय भाशा संस्थान (सी.आय.आय.एल.), विद्यापीठ अनुदान आयोग (यू.जी.सी.), राष्ट्रीय शिक्षणीक तंत्रगिन्यान फोरम (एन.ई.टी.एफ.), अखील भारतीय तंत्रिकी शिक्षण मंडळ (ए.आय.सी.टी.ई.), राष्ट्रीय वेवसायीक शिक्षण आनी प्रशिक्षण मंडळ (एन.सी.व्ही.ई.टी.), राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण मंडळ (एन.सी.टी.ई.), भारतीय भाशा समिती (बी.बी.एस.) आनी हेर. तपशीलवार माहिती शिखर परिशदेचे वॅबसायटीचेर उपलब्ध आसा: https://technologybharatiyabhasha.aicte-india.org